# देवाची खोशी करूंक दुसऱ्यांक मजत करप

***तूं कितें शिकताय त्या विषयांत दुसऱ्यांक कित्याक सांगचें? (१)***

***कोणा सांगाताक तूं बोरी खोबोर वाटूंक शकताय? (२)***

***तुज्या चलावणूकीचो कसलो परिणाम दुसऱ्यांचेर जावूं शकता? (२)***

***सभे सांगाताक केदनां तूं पर्गट करूंक शकताय? (३)***



१. आतां पर्यंत तूंवें बाइबलां थावन जाय्त्यो बोऱ्यो विषयो शिकल्यो. या ज्ञानान तुका एक ख्रिस्तांव मुनशापण वोसोंवच्याक चोलोवूंक जाय. (इफेजकारांक ४:२२-२४) तुवें सासणाचीं जीण जोडच्या खातीर असलें ज्ञान तात्वीक आसा. (जुआंव १७:३) तोरुय अस्तानां, दुसऱ्यांनी पासून बोरी खोबोर आयकूंक गोरोज आसा कित्याक तांचो पासून बचाव जावूं शकता. सगल्या खऱ्या ख्रिस्तांवांनी दुसऱ्यांक पर्गट करूंक जाय. तो देवाचो हुकूम. —रोमकारांक १०:१०; १ कोरींतकारांक ९:१६; १ तिमोताक ४:१६.

२. बोऱ्यो विषयो ज्यो तूं शिकताय त्यो तुज्या देगेक आसलोल्यांशी वाटोंक तुज्यान सुरुवात करूंक येता. त्यो तुज्या कुठूंबाक, इस्टांक, इस्कोल सागांत्यांक, आनी वावर सांगांत्यांक सांग. हें करता आस्तानां दयाळ आनी सोसणीकायेचो जाव. (२ तिमोताक २:२४, २५) एकलो कितें सांगता तें ताणीं आयकोवच्या पोरोस लोक घड्येनघडी एकल्याच्या चलावणूकीचेर चोड पोळोयतात तें उगडास दोवोर.—मातेव ५:१६; १ पेद्रू ३:१, २, १६.



३. वेळ पावतोगोच, यहोवाच्या साक्षांच्या गांवच्या सभे सांगाताक पर्गट करूंक तूं घडये गूणेस्त घडतोलोय. तो तुज्या प्रगतीतलो एक महत्वाचो पांवडो आसा. (मातेव २४:१४) कितलो सोंतोस जायत जोर तोर तूं कोणांय एकल्याक यहोवाचो चाकोर जावंक आनी सासणाची जीण मेळोवून घेवूंक मजत करूंक ताकोत जाल्यार! —१ तेसालोनीक्कारांक २:१९, २०.